Panaji National 9th March 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मंगळारा सावन दोन दिसांच्या मॉरिशस भेटेर वतले.
- संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो दुसरो भाग फाल्यां सुरू जातलो.
- दिल्ली सरकारान गरीब बायलांक म्हयन्याक 2500 रुपया दिवपा खातीर महिला समृधी येवजणेक मान्यताय दिल्या.
- आयसीसी चॅम्पियन्स ट्रॉफी क्रिकेट सर्तीचे फायनलींत आयज दुबयंत भारत न्यूझीलंड आड खेळतलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 2.30 वरांचेर सुरू जातली.
- बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेटांत काल लखनौंत युपी वॉरियर्सान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूक 12 धांवड्यांनी हारयलो.

-------------------------------------

PM Mauritius

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मंगळारा सावन दोन दिसांच्या मॉरिशस भेटेर वतले. काल सांजवेळा नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना परराश्ट्र सचीव विक्रम मिस्री हांणी सांगलें, 2015 उपरांत प्रधानमंत्र्याची ही पयलीच मॉरिशस भेट. भारताचो मॉरिशसा कडेन शेंकड्यांनी वर्सां लागींचो संबंद आसा, जे सामायिक इतिहास, संस्कृती आणि परस्पर लोकां मदल्या संपर्काचेर आदारून आसात अशें तांणी सांगलें. मॉरिशस हो हिंद म्हासागरांतलो भारताचो मुखेल भागीदार आनी लागींचो सागरी शेजारी आसा अशें मिस्री हांणी सांगलें. परराश्ट्र सचीवान सांगलें की, 2015 वर्सा मॉरिशसांतच प्रधानमंत्र्यानि सागर - प्रदेशांतल्या सगळ्यां खातीर सुरक्षा आनी वाड - हो दृश्टीकोण उक्तायलो, जी हिंद म्हासागराच्या प्रदेशा कडेन भारताची वचनबद्धताय दाखयता. मॉरिशसा बरोबर भारताची घटमूट उदरगत भागीदारी आसा अशें तांणी सांगलें. फाटल्या धा वर्सांत दोनूय राश्ट्रां मदले संबंद खूब खोल जाल्यात अशें तांणी सांगलें. मिश्री हांणी सांगलें, हे भेटीक लागून दोनूय देशांक द्विपक्षीय संबंदांचो आढावो घेवंक मेळटलो. हे भोंवडेची एक खाशेली गजाल

म्हळ्यार मॉरिशसाच्या राश्ट्रीय दीस उत्सवांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां मुखेल सोयरो म्हूण आमंत्रित केला अशें तांणी सांगलें.

-------------------------------------

PARLIAMENT-BUDGET SESSION

संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो दुसरो टप्पो सोमारा सावन सुरू जातलो. 4 एप्रील मेरेन चलपी अधिवेशनाच्या दुसऱ्या टप्प्यांत 20 बसका जातल्यो. अधिवेशनांत 2025-26 वर्सा खातीर अनुदानाची मागणी आनी संबंदीत विनियोग विधेयकाचेर चर्चा आनी मतदान जातलें. ते भायर बँकींग कायदे (दुरुस्ती) विधेयक, Coastal Shipping विधेयक, 2024 त्रिभुवन सहकारी विद्यापीठ विधेयक, इमिग्रेशन आनी परकी विधेयक, 2025 आनी रेल्वे (दुरुस्ती) विधेयक सयत जायते कायदे चर्चा आनी संमत करपा खातीर घेतले. संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो पयलो भाग 31 जानेवारी ते 13 फेब्रुवारी मेरेन जालो. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी संसदेच्या दोनूय सभाघरांक संबोधित केल्लें आनी अधिवेशनाच्या पयल्या भागांत अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर केल्लो. लोकसभेंत पयल्या भागांत 112 टक्के उत्पादकता नोंद जाल्ली.

-------------------------------------

Delhi

दिल्ली सरकारान गरीब बायलांक म्हयन्याक 2500 रुपया दिवपा खातीर महिला समृधी येवजणेक मान्यताय दिल्या. दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हाणी पत्रकार परिशदेत ही म्हायती दिली. आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान दिल्ली सरकाराची मंत्रीमंडळची बसका जाली आनी तातूंत हे येवजणेक मान्यताय दिली अशें तांणी सांगलें. हे येवजणेची अंमलबजावणी करपा खातीर 5 हजार एकशें कोटी रुपयांची अर्थसंकल्पीय तजवीज केल्या अशें तांणी सांगलें. हे येवजणेची अंमलबजावणी करपा खातीर दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हांच्या अध्यक्षतेखाला एक समिती स्थापन केल्या. हे समितींत दिल्लीचे मंत्री आशीष सूद, परवेश साहिब सिंग आनी कपिल मिश्रा हांचोय वांगडी म्हूण आस्पाव आसा. महिला समृधी येवजणेची नोंदणी

प्रक्रिया सुरू करपा खातीर बेगीनूच पोर्टल सुरू करतले अशें दिल्लीच्या मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. राष्ट्रीय राजधानीतल्या बायलांची सुरक्षीतताय आनी समृध्दी सुनिश्चीत करपा खातीर दिल्ली सरकार वावुरतलें अशें  गुप्ता हाणी सांगलें.

-------------------------------------

MUMBAI-VAISHNAW

नव्या उद्देगीक आनी ज्ञान क्रांती आनी कृत्रीम बुध्दीमत्तेच्या ह्या काळांत भारत फकत सेवा दिवपी देश म्हणून न्हय तर एक मुखेल तंत्रज्ञान निर्मातो म्हणूनय उदयाक येता अशें केंद्रीय रेल्वे, म्हायती आनी प्रसारण, इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. मुंबयत खाजगी मिडिया हाऊसान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले. देशांतल्या घटमूट स्टार्टअप इकोसिस्टमाची तोखणाय केली आनी भारत सगळ्यांत चड स्टार्टअप आशिल्ल्या संवसारांतल्या पयल्या तीन देशां मदीं आसा अशें वैष्णव हांणी सांगलें. नितळ, शाश्व्त उर्जे खातीर सरकार खोलायेन कटिबद्ध आसा आनी ह्या वर्साच्या अखेर मेरेन भारतीय रेल्वे 100 टक्के वीजेचेर चलतली असोय उल्लेख केंद्रीय मंत्र्यानि केलो.

रेल्वे विशीं उलयतना फाटल्या दशकांत 45 हजार किलोमीटर रेल्वेमार्गचे विद्युतीकरण जालां अशी म्हायती वैष्णव हाणी दिली. रेल्वे क्षेत्रांत तंत्रगिन्यानाचो व्हड प्रमाणांत उपेग जाता हाचेर तांणी भर दिलो.

-------------------------------------

Khadi

खादी आणि ग्रामोद्योग आयोगाचे (KVIC) अध्यक्ष मनोज कुमार हाणी काल मध मिशन अंतर्गत स राज्यांनि २,०५० वयर मधमाशी पेट्यांचे वाटप केले. तशेंच दिल्लींतल्या केव्हीआयसीच्या राजघाट कार्यालयांतल्यान व्हिडियो कॉन्फरन्स वरवीं 205 मधमाशी पालकांक टूलकिट वांटले.तशेंच प्रयागराजांत जाल्ल्या महाकुंभ मेला वेळार 12 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या खादी उत्पादनांची इतिहासीक विक्री जाल्ल्याची म्हायती तांणी दिली. तशेंच फाटल्या 10 वर्सांत खादी क्षेत्रान केल्ल्या

कामगिरीचेर तांणी भर दिलो. खाडी आनी ग्राम उद्देगाच्या उत्पादनांची विक्री 31 हजार कोटी रुपयां वेल्यान पांच पटींनी वाडून 1 लाख 55 हजार कोटी रुपया जाल्या अशें तांणी सांगलें. फाटल्या अर्थीक वर्सा 10 लाखां परस चड नव्यो नोकऱ्यो निर्माण जाल्यात, तातूंतल्यो 80 टक्क्यां परस चड नोकऱ्यो बायलां खातीर निर्माण जाल्यात अशें तांणी सांगलें. तशेंच फाटल्या दशकांत खादी कारागिरांचें उत्पन्न 213 टक्क्यांनी वाडलां अशें तांणी सांगलें.

-------------------------------------

Hyderabad

केंद्रीय नुस्तेमारी आनी पशुपालन मंत्री राजीव रंजन सिंग हाणी काल सांजवेळा हैदराबादांत स्टार्टअप कॉन्क्लेव 2.0 चें उक्तावण केलें. ह्या वेळार उलयतना तांणी सांगलें, ताचो एक भाग म्हूण नुस्तेमारी खातें 10 स्टार्टअपांक दरेकीं 10 लाख रुपयांनी मजत करून प्रोत्साहन दिता. पीएम मत्स्य संपदा येवजणेंतल्यान नुस्तेमारी क्षेत्राक चालना मेळटा अशें सांगून मंत्र्यांनी म्हळें अंडमान आनी लक्षदीपांत नुस्तेमारी संबंदीत कृती येवजण बेगीन चालीक लायतले. स्टार्टअपांक नुस्तेमारीचें मार्केटिंग आनी निर्यात सुदारपाचेर लक्ष केंद्रीत करपाक सांगलें. मत्स्यव्यवसाय राज्यमंत्री प्रा. एस.पी. सिंह बघेल आणि नीती आयोगाचे सदस्य प्रा. रमेश चंद हे सुद्धा उपस्थित आशिल्ले.

-------------------------------------

ICC

आयसीसी चॅम्पियन्स ट्रॉफी क्रिकेट सर्तीचे  फायनलींत आयज दुबयंत भारत न्यूझीलंड आड खेळतलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 2.30 वरांचेर सुरू जातली. हे सर्तींत भारतान आतां मेरेन सगळ्यो मॅची जिखून गट मॅचींत न्यूझीलंडाक 44 धांवड्यांनी हारयला.

-------------------------------------

WPL

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेटांत काल लखनौंत युपी वॉरियर्सान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूक 12 धांवड्यांनी हारयलो. हे हारीक लागून डिफेंडिंग चॅम्पियन बेंगळुरू हो सर्तींतल्यान भायर पडपी दुसरो पंगड जालो. यूपी वॉरियर्स पयलींच सर्तींतल्यान भायर पडला. यूपी वॉरियर्साच्या 226 धांवड्यांच्या लक्ष्याक जाप दितना बेंगळुरूक 19 ओव्हरींनी आनी 3 बॉलांनी फक्त 213 धांवड्यो करपाक शक्य जाले. बेंगळुरूची ऋचा घोशान 69 जाल्यार स्नेहा राणान 26 धांवड्यो केल्यो. युपी वॉरियर्साची सोफी एक्लेस्टोन आनी कर्णधार दीप्ती शर्मा हांणी दरेकीं तीन विकेटी घेतल्यो.

फाल्यां मुंबयंत मुंबय इंडियन्स आनी गुजरात जायंटस ह्या पंगडा मदि खेळ जातलो.

-------------------------------------

IMD

अस्तंत बंगालाच्या उपहिमालयाच्या वाठारात आयज काय सुवातींनी सुवातेर गडगड आनी जोगला मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फाल्यां जम्मू, काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, बाल्टीस्तान, मुजफ्फरबाद, हिमाचल प्रदेशात एकसुरे सुवातेर वीज पडपाची शक्यताय आसा. तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगाय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. फुडल्या दोन दिसांत कोंकण, गोंय, सौराष्ट्र आनी कच्छ हांगा कालोराच्या ल्हारांचोय अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला. फुडल्या चार दिसांत देशाच्या वायव्य आनी अस्तंत वाठारांत तापमानात तीन ते चार अंश सेल्सियस वाड जावपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

-------------------------------------